# पयल्या कार्यगट समितीची बसका जाली

ता. 16 सप्टेंबर 2024

आयज पर्वरी सचिवालयांत गोंय मिस्त्र वित्त सुविधा कार्यान्वित करपाविशीं चर्चा करपा खातीर पयल्या कार्यगट समितीची बसका जाली. गोंय सरकार आनी जागतिक बँकेन आयोजीत केल्ली ही बसका पर्यावरण आनी हवामान बदल मंत्री श्री आलेक्स सिक्वेरा हांच्या यजमानकेखाला जाली.

बसकेत मुखेल करून प्रशासन रचणूक, मध्यस्थ वेव्हार आनी सुविधांविशीं धोरणात्मक दिका हे संबंदीत निर्णयांचेर चर्चा जाली. तशेंच आर्थिक जोखमीचे वेवस्थापन करपा खातीर स्पेशल पर्पज व्हेईकल (SPV) ची निर्मिती, पर्यायी गुंतवणूक निधी (AIFs) ची नोंदणी आनी गोंयांतल्या शाश्वत पायाभूत सुविधां खातीर भांडवल एकटाय करप आनी हेर म्हत्त्वाच्या मुद्द्यांचेर बसके चर्चा जाली.

ह्या बसकेक प्रधान सचिव (वित्त) डॉ. व्ही. कांदवेलू आनी कार्यगट समितीचे हेर सदस्य उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/489

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.